**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं**

ता. 1 ऑक्टोबर 2025

राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो, जाका आमी विजयादशमी अशेंय म्हणटात. दसरो हो सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर, सत्यान असत्याचेर आनी गिन्यानान अज्ञानाचेर मेळयिल्ल्या जैताचो उत्सव आसा. भगवान श्री रामान रावणाचेर आनी देवी दुर्गा मातेन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण हो उत्सव मनयतात, जे भितरल्या आनी भायल्या संघर्शाची शक्तीशाली निशाणी आसा, जाका जीणेत आमी सगळें तोंड दितात.

हो उत्सव आमकां उगडास करून दिता, की नकारात्मक शक्ती कितली ताकदवान आसा हाची परवा ना, धाडस, सत्य आनी एकजूटीन अशां शक्तींचेर सदाच जैत मेळोवप शक्य आसा. हो उत्सव आमकां कर्तव्य पालन, दयाळूपण आनी आमच्या दिसपट्टे कृतींनी प्रामाणिकपणान जगपाक प्रेरणा दिता.

दसऱ्याच्या ह्या शुभ प्रसंगार हांव प्रत्येकाक अपेक्षा, दयाळूपण आनी परस्पर आदराच्या भावनेन भरील्लो अदीक सलोख्याचो आनी आसपावीत समाज निर्माण करपाच्या दिकेन वावर करपाचो उलो मारता.

दसऱ्याचो उत्सव सगळ्यांक खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/800

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.